राजश्री कामत राष्ट्रीय खबरो 28.03.2005 @ 8.40 am

द्विपक्षीय संबंद घटमूट करप, वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवप, नवनिर्माण आनी टिकावूपणांत सहकार्य वाडोवप हाचेर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल बेल्जियमचे राजा फिलीप हांचे कडेन दूरध्वनीचेर चर्चा केली.

प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर बायलां आनी बाल विकास मंत्रालयान अर्ज मागयल्यात. अर्जदारांक 1 एप्रील सावन राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टला वरवीं अर्ज करपाक मेळटले

जम्मू-काश्मीरांतल्या कठुआ जिल्ह्यांतल्या जुथानातल्या सुफायन रान वाठारांत काल रातीं जाल्ल्या चकमकीत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलें आनी तितलेच सुरक्षा कर्मचारी शहीद जाले.

काल जॉर्डनांतल्या अम्मानांत जाल्ल्या वरिष्ठ आशियाई कुस्ती सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा भारतान एक रुप्या आनी दोन कांस्य पदकां मेळयलीं.

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या अंतर्गत भागात उश्णतायेचे ल्हार येवपचो अदमास काडला.

मोदी 50

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल बेल्जियमचे राजा फिलीप हांचे कडेन दूरध्वनीचेर चर्चा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें की द्विपक्षीय संबंद घटमूट करप, वेपार आनी गुंतवणूक वाडोवप, नवनिर्माण आनी टिकावूपणांत सहकार्य वाडोवप हाचेर चर्चा केल्या. तशेंच राजकुमारी एस्ट्रिड हांच्या फुडारपणा खाला हालीच बेल्जियमात भारतांन केल्ल्या अर्थीक मोहिमेचीय मोदी हाणी तोखणाय केली.

पुरस्कार 80

प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कारा खातीर बायलां आनी बाल विकास मंत्रालयान अर्ज मागयल्यात. अर्जदारांक 1 एप्रील सावन राष्ट्रीय पुरस्कार पोर्टला वरवीं अर्ज करपाक मेळटले, भारतांत रावपी खंयचोय भारतीय नागरिक, जो 31 जुलय 2025 मेरेन 5 वर्सां आनी 18 वर्सां परस चड पिराय ना तो ह्या पुरस्कारां खातीर पात्र आसा अशें मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां. शौर्य, खेळ, समाजसेवा, विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, पर्यावरण, कला आनी संस्कृताय ह्या मळार अपवादात्मक कामगिरी खातीर मंत्रालय दर वर्सा प्रधानमंत्री राष्ट्रीय बाल पुरस्कार आयोजित करता. ऑनलायन अर्ज करपाची निमाणी तारीक 31 जुलय आसा

JK 110

जम्मू-काश्मीरांतल्या कठुआ जिल्ह्यांतल्या जुथानातल्या सुफायन रान वाठारांत काल रातीं जाल्ल्या चकमकीत तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलें आनी तितलेच सुरक्षा कर्मचारी शहीद जाले. पुलीस उपअधीक्षक आनी एक पॅरा कमांडो सयत चार सुरक्षा कर्मचारी जखमी जाले. सुफायन रान वाठारांतल्या आतंकवाद्यांच्या पंगडाची सोद कारवाय काल सकाळीं ही चकमक सुरू जाली. तीन आतंकवाद्यांक मरण आयलां, पूण तांचीं मडीं मेळूंक नात. वाठारांत आनीक पगड धाडलयात. आतंकवाद्यांनी सुरक्षा कर्मचाऱ्यांचेर जोरदार फारपेट केली . हिरानगर क्षेत्रांतल्या आंतरराष्ट्रीय शिमेचेर सन्याल गांवा लागसार 23 मार्चाक पयलेच खेपे पांच आतंकवादी दिसले थंयच्यान ही चकमक जाली सुवात सुमार 30 किलोमीटर अंतराचेर आसा. उपरांत घेराबंदी आनी सोद कारवाय सुरू जाली, पूण गोळीबार जाले उपरांत आतंकवादी पळून वचपाक येसस्वी जाले. तेन्नासावन बहुस्तरीय सोद मोहीम सुरू आसा.

UP 120

उत्तर प्रदेशाचे पुलीस महासंचालक प्रशांत कुमार हांणी आगामी ईद-उल-फितर महोत्सवांत कायदो आनी सुवेवस्था राखपा खातीर सुरक्षा मार्गदर्शक तत्वां जारी केल्यांत. राज्यांतल्या सगळ्या विभागीय अतिरिक्त पुलीस महासंचालक, पुलीस आयुक्त, प्रादेशिक महानिरीक्षक, उपमहानिरीक्षक, वरिश्ठ पुलीस अधीक्षक आनी पुलीस अधीक्षकांक ह्यो सुचोवण्यो दिल्यात. मार्गदर्शक तत्वां प्रमाण झोन आनी सेक्टर येवजणे खाला सुरक्षा तैनाती खातीर संवेदनशील वाठार वळखुपाक आनी पुलीस वेवस्था करची पडटली . खंयचीय नवी परंपरा सुरू जावची न्हय आनी प्रतिबंधात्मक कारवाय करपा खातीर असामाजिक घटकांची वळेरी अद्ययावत करपाची सुचोवणी अधिकाऱ्यांक दिल्या. तांचो सहकार मेळोवपा खातीर शांतताय समितीचे वांगडी आनी धर्मीक फुडाऱ्यां कडेन बसका घेवपाचेर डीजीपीन लक्ष केंद्रीत केलां. वरिश्ठ अधिकाऱ्यांक सगळ्या सुवातींनी भेट दिवन फावो त्या पुलीस आनी पीएसी दळा वांगडा ध्वज मार्च काडपाची आनी उपलब्ध आशिल्ल्या सीएपीएफचो आस्पाव करपाची सुचोवणी दिल्या.

चीली 90

चिलीचे राष्ट्रध्यक्ष गब्रिएल बोरीक फॉन्ट 1 एप्रील सावन पांच दिसांच्या भारत भेटीर येतले .ताचे वांगडा मंत्री, संसदेचे वांगडी, वरिश्ठ अधिकारी, वेवसायीक संघटना, माध्यमां आनी भारत-चिली सांस्कृतीक संबंदांत वांटो घेवपी नामनेचे चिलीचे लोक आसतले. राष्ट्रध्यक्ष म्हन राष्ट्रध्यक्ष बोरीक हांची ही पयली भारत भेट आसतली. हे भेटी वेळार राष्ट्रअध्यक्ष बोरीक 1 एप्रीलाक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन चर्चा करतले, जातूंत भारत-चिली संबंदांचेर चर्चा जातली. प्रधानमंत्री भेटीदार मानेस्तांच्या सन्मानान जेवण आयोजीत करतले. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू. राष्ट्राध्यक्ष बोरीक हांका मेळटली आनी ताच्या सन्मानार्थ मेजवानी दीतली . राष्ट्राध्यक्ष बोरिक 5 एप्रीलाक चिलींत परतूचे पयलीं आग्रा, मुंबय आनी बेंगळुरूकय भेट दितले.

मोदी 70

काल नवी दिल्लींत जपान असोसिएशन ऑफ कॉर्पोरेट एक्झिक्यूटिव्हसचे अध्यक्ष ताकेशी निनामी हांच्या फुडारपणा खाला उच्चस्तरीय शिष्टमंडळाची प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी भेट घेतली. भारत आनी जपान हांचे मदलो अर्थीक सहकार आनीक घटमूट करपा खातीर तांचे विचार आनीकल्पना समजून घेवपाचो हे चर्चेचो हेत आशिल्लो. द्विपक्षीय वेपार घटमूट करप, गुंतवणूक संदी वाडोवप आनी शेतकी, दर्यांतले उत्पादन, अंतरिक्ष, संरक्षण, विमो, तंत्रज्ञान, मुळावी बांदावळ, नागरी विमानन, निवळ उर्जा, अणुकेंद्रीय उर्जा आनी एमएसएमई भागीदारी अशा मुखेल क्षेत्रांनी सहकार्य वाडोवपाचेर चर्चा जाली

शाह 160

राष्ट्रीय सुरक्षक धोको निर्माण करपी लोकांक भारतांत प्रवेश मेळचो ना अशें केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाहा हाणी सांगलां. इमिग्रेशन आनी फॉरेनर्स विधेयक, 2025चेर जाल्ले चर्चेक जाप दितना तांणी सांगलें, ते रोहिंग्या आसूं वा बांगलादेशी, ते भारतांत अशांतता निर्माण करपाक आयले जाल्यार तांचे आड खर कारवाय जातली. शाह हाणी म्हणलें, देश हो 'धर्मशाळा' न्हय, जंय कोनूय आपल्या इतसे प्रमाण रावपाक शकता

देशाचे सुरक्षे खातीर देशांत कोण, कितलो तेंप आनी खंयच्या कारणांक लागून प्रवेश करता तें सरकाराक कळपाक जाय अशें गृहमंत्री शाह हांणी सांगलें. ह्यो संकल्पना नवयो न्हय, अशा हक्कांचो उल्लेख वेगवेगळ्या कायद्यांत आयला आनी आतां सरकारान तीं एकवटीत केल्यांत अशें तांणी सांगलें. इमिग्रेशन आनी फॉरेन विधेयकाच्या आदारान सरकार देशांत भितर सरपी दरेका विदेशी मनशाचो फाट पुरावों मागोवपाक एक तपशीलवार आनी संरचित प्रणाली स्थापन करतले अशे शाहा हाणी सांगलें. हाका लागून देशाची उदरगत जातली आनी वेवसायां खातीर येवपी लोकांचेर नदर दवरपाक मजत जातली अशें तांणी सांगलें. हाका लागून

सुरक्षा धोको निर्माण करपी व्यक्तींचेर सरकाराक बारीक नदर दवरपाक मेळटली अशें गृहमंत्री शाह हांणी सांगलें.

शिवराज 110

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी केंद्र सरकार शेतकार अनुकूल आसा आनी शेतकारांच्या कल्याणा खातीर पुराय वचनबद्धतेन सतत वावुरता हाचेर भर दिलो. हे दिकेन किमान आदार दरान शेतकारां कडल्यान उत्पादन खरेली करपाचेय काम सुरू आसा अशें तांणी सांगलें. किमान आदार दराच्या सकयल खरेदी जावची न्हय हाची खात्री राज्य सरकारांनी करची अशें चौहान हांणी सांगलें. आंध्र प्रदेश, गुजरात, कर्नाटक, महाराष्ट्र आनी तेलंगणा हांगा किमान आधारभूत दरान खरेदी सुरू आसा अशी म्हायती चौहान हाणी  दिली. ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखे मेरेन ह्या राज्यांनी वट्ट 2.46 लाख मेट्रीक टन तुर खरेदी केल्या आनी ताचो फायदो 1.71 लाखां वयर शेतकारांक जालो. सध्या उत्तर प्रदेशांत तुरीचो दर किमान आधारभूत किमतीपेक्षा चड आसा अशें तांणी सांगलें.

स्पोर्ट्स 50

काल जॉर्डनांतल्या अम्मानांत जाल्ल्या वरिष्ठ आशियाई कुस्ती सर्तीच्या तिसऱ्या दिसा भारतान एक रुप्या आनी दोन कांस्य पदकां मेळयलीं. भारतीय बायलां कुस्तीगीरांनी प्रभावी कामगिरी केली, रितिकान रुप्या पदक मेळयलें, जाल्यार मुस्कान आनी मानसी लाथेर हांणी दरेकीं एक कांस्य पदक मेळयलें. 76 किलो वजनाच्या वर्गांत वांटो घेवपी रीतिकान ह्या जिंक्यपद सरतित भारताचें पयलें रुप्या पदक जिखलें.

फुटबॉल 100

फुटबॉलांत काल मलेशियाच्या क्वालालंपूर शारांतल्या आशियाई फुटबॉल कॉन्फेडरेशन (ए एफ सी) हाऊसांत ए एफ सी बायलांच्या आशियाई कप, ऑस्ट्रेलिया 2026 पात्रताय सर्ती खातीर ड्रॉ जाली. भारतीय वरिश्ठ बायलांचो पंगड बी गटांत थायलंड, मंगोलिया, तिमोर लेस्टे आनी इराक हांचे वांगडा बरोबरीचेर आशिल्लो. थायलंड २३ जून ते ५ जुलै मजगती केंद्रीकृत सिंगल राउंड-रॉबिन स्वरूपात पात्रताय सर्तीच्या ग्रुप बी चे आयोजन करतले.फुडल्या वर्सा 1 ते 26 मार्च ह्या काळांत ऑस्ट्रेलियांतल्या तीन यजमान शारांनी जावपी निमाणे सर्ती खातीर गट विजेते पात्र थारतले. ए एफ सी बायलांच्या आशियाई कप ऑस्ट्रेलिया २०२६ च्या पयल्या स पंगडांक ब्राझील २०२७ वर्सा जावपी फिफा बायलांच्या विश्वचषका खातीर पात्रताय मेळटली.

हवामान 80

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशाच्या अंतर्गत भागात उश्णतायेचे ल्हार येवपचो अदमास काडला. दर्यादेग आंध्र प्रदेश आनी यानामांत दीसभर उश्ण आनी दमट हवामान उरपाची शक्यताय आसा. फाल्यां मेरेन अरुणाचल प्रदेशांतल्या कांय वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस वा बर्फ पडपाचो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. केरळ, माहे, दक्षिण अंतर्गत कर्नाटक, अरुणाचल प्रदेश, आसाम, मेघालय, उपहिमालय अस्तंत बंगाल आनी सिक्किम हांचेर आयज काय सुवातेर गडगड वादळ, वारें आनी वीज पडपाची शक्यताय आसा. अस्तंत राजस्थानांतल्या कांय सुवातींनी आयज धुळीचे वारें व्हांवपाक शकता अशें हवामान खात्यान सांगलां.

आल्बानीस 50

ऑस्ट्रेलियेचे प्रधानमंत्री अँथनी आल्बानीस हाणी जाहीर केलें की ह्या वर्सा 3 मे दिसा देशांत भौशिक वेंचणूक जातली. गव्हर्नर जनरल सॅम मोस्टीन हांच्या अधिकृत

निवासस्थानार भेट दिले उपरांत संसद घरांत पत्रकार परिशदेंत आल्बानीस हाणी ही घोषणा केली. ताणी व्हिडियो संदेशांत फुडल्या कार्यकाळा खातीर खूपशी आश्वासना मतदारांक दिली आनी मतदान करपाचो उलो मारला.

परत मुखेल खबरो

आनी इतल्यान हयो राष्ट्रीय खबरो सोपलयो. यांचे मुखवेल्यो राष्ट्रीय खबरो तुमका एकूनक मेळतल्यो सांजेच्या स वरा 30 मिनिटांचेर नमस्कार